आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरा

**Date :13 /02/2025** **7.20 pm**

मुखेल खबरो

1 मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राज्य गुंतवणूक उर्बा मंडळाचे (आयपीबी) बसकेंत 733 कोटींच्या 9 प्रकल्पांक मान्यताय दिली.

2 आयज संवसारीक रेडिओ दीस.

3 शास्त्रीय संगीत तशेंच नाट्यगीत गायक, अभिनेते पं. प्रभाकर जनार्दन कारेकार (80) बुधवारा रातीं संवसाराक अंतरले.

4 साखळीच्या रवींद्र भवनात 18 फेब्रुवारी 2024 दिसा अखिल गोंय सवेश नाट्यगीत गायन सर्त आयोजित केल्या

5 गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी आनी रोजरी वाणिज्य आनी कला म्हाविद्यालय, नावेली हांच्या जोड पालवान 15 ते 16 फेब्रुवारी असे दोन दीस 24 वें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन आयोजीत केलां.

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आकाशवाणी पणजीचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार

राज्य गुंतवणूक उर्बा मंडळाचे (आयपीबी) बसकेंत 733 कोटींच्या 9 प्रकल्पांक मान्यताय दिली. हाचे वरवीं 2319 जाणांक रोजगार मेळटलो, अशें ह्या वेळार पत्रकारां कडेन उलयतना मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. विशेश म्हळ्यार नोकऱ्यांनी गोंयकारांक प्राधान्य मेळचें हे खातीर सरकार यत्न करतलें.मेळिल्ले म्हायती प्रमाण, गोवा गुंतवणूक उर्बा मंडळान बुधवारा णव प्रकल्पांक मान्यताय दिली. हाचे वरवीं राज्यांत 733 कोटी रुपया गुंतवणूक हाडपाची आनी 2319 जाणां खातीर रोजगार निर्माण करपाचो सरकाराचो हेत आसा. हे बसकेंत मंजुर केल्ल्या प्रकल्पांनी नवीन गुंतवणूक, वांगडा वखदां निर्माण, गुदांव, मशीन टूल्स आनी पिवपाच्या मळावेलीं उत्पादन सुविधांचो विस्तार करप हांचो आसपाव आसा. मुख्यमंत्री सावंत हांचे अध्यक्षते खाला ही बसका जाली.हांगच्या प्रकल्पांत प्रॉक्टर अँड गॅम्बलची उपकंपनी 'जिलेट डायव्हर्सिफायड ऑपरेशन्स प्रायव्हेट लिमिटेड' खाला विस्तार आनी झायडस लायफसायन्सेस लिमिटेडच्या एका प्रकल्पाचो आसपाव आसा. हाचे भायर सिप्ला आनी हेर भोवराष्ट्रीय कंपन्यांक कुंडय उद्देगीक वसणुकेंत उत्पादन केंद्राच्या विस्ताराक मान्याताय मेळ्ळ्या. गोंय सरकारन लॉजिस्टिक्स मळाक उद्देगाचो दर्जो दिला. हाचे खाला मेसर्स एक्सप्रेस मशीन्स ऍण्ड स्कॅफोल्डिंग प्रायव्हेट लिमिटेडाक राज्यांत आनीक एक व्हड गोदाम (स्टोरेज) सुविधा स्थापन करपाक मंडळान मान्यताय दिल्या. हाचे वांगडा, राज्य गुंतवणूक

प्रोत्साहन मंडळाची पूर्व मान्यताय मेळिल्ल्या केपेंच्या इंडियन होटल्स कॉर्प. लिमिटेड. च्या ईको-टुरिझम प्रकल्पाच्या विस्ताराकूय मान्यताय दिल्या.

रेडिओ दिस 100

आयज संवसारीक रेडिओ दीस मनयतात. रेडिओच्या म्हत्वा विशीं लोकां मदीं जागृताय निर्माण करपा खातीर आनी रेडिओ वरवीं म्हायती मेळोवपाक लोकांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर दर वर्सा 13 फेब्रुवारीक संवसारीक रेडिओ दीस मनयतात. 'रेडिओ आनी हवामान बदल' ही ह्या वर्साच्या संवसारीक रेडिओ दिसाची संकल्पना आसा.

संवसारीक रेडिओ दिसा निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी परबीं भेटयल्यां. खबरो आनी संस्कृताय ते संगीत आनी कथा सांगपा मेरेन रेडिओ हें सृजनशीलताय मनोवपी एक बळिश्ट माध्यम अशें सोशल मिडिया वरवीं केल्ल्या एका पोस्टांत प्रधानमंत्र्यानीं म्हळां. तशेंच ह्या म्हयन्याच्या 23 तारखेक जावपा आशिल्ल्या मन की बात कार्यावळी खातीर नागरिकांनीं आपले विचार आनी कल्पनां मांडच्यो अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलां.

जितीन प्रसाद 90

कोव्हीडाचे दुयेस, हवामान बदल, तशेंच रशिया युक्रेनचे वादग्रस्त वातावरणात सारखी आव्हाना पेलीत देशाच्या अर्थकरणाचेंर ताचो कसलोच फरक पडुंक ना दिवन एक बरो अर्थसंकल्प केंद्रिय वित्त अर्थमंत्री निर्मला सितारामन हांका येस आयला अशी प्रतिक्रिया जितीन प्रसाद हांणी व्यक्त केला ते पणजे भाजप मुख्यालयात घेतिल्या पत्रकार परीशदेत उलयताले. ह्यावेळार भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक, तशेंच उत्तर गोंयचे खासदार श्रीपाद नायक हाजीर आशिल्ले. केंद्रिय अर्थसंकल्पात मरीनटायम, जहाज बांधणी, कृशी, पर्यटन, नुस्तेमारी आनी पोसवण, फार्मा उद्देगाखातीर केल्या तजविजिंचो गोंयाक फायदो जातलो असो विस्वास केंद्रिय उद्देग आनी वेपार खात्याचे राज्यमंत्री जीतीन प्रसाद हांणी ह्यावेळार व्यक्त केला.

पं. प्रभाकर जनार्दन कारेकार 175

शास्त्रीय संगीत तशेंच नाट्यगीत गायक, अभिनेते पं. प्रभाकर जनार्दन कारेकार (80) बुधवारा रातीं संवसाराक अंतरले..तांच्या फाटल्यान तीन चले,सुना,नातरांअसोपरिवारआसा. पं. कारेकार हांचो जल्म 4 जुलय 1944 वर्सा माशेलांत जालो. उपरांत तांणी शास्त्रीय संगीताचे धडे घेतले. 2022 वर्सा सावन तांकां यकृताचे दुयेंस आशिल्ले. पिरायेच्या बाराव्या वर्सा ते गायन शिकपाक मुंबय आयले. उपरांत तांणी पं. जितेंद्र अभिषेकी हांचे कडेनगायनशिकलें. पं. कारेकार हांणी मराठी नाट्यगीतां, हिंदीचीं पदां गायल्यांत. बोलावा विठ्ठल पाहावा विठ्ठल, वक्रतुंड महाकाय अशीं नामनेचीं गितां तांच्या नांवान आसात. गायक आनी बरे शिक्षक म्हणून तांची नामना

आशिल्ली. ऑल इंडिया रेडिओ आनी दूरदर्शना खातीर तांणी जायत्यो कार्यावळी केल्ल्यो आनी ह्या माध्यमांचेर ते लोकप्रीय कलाकार आशिल्ले. तांणी मुंबय आकाशवाणीच्या कोंकणी विभागांत पं. जितेंद्र अभिषेकी मुखेली आसतना आनी उपरांत जायतीं कोंकणी पदां गायल्यांत. कारेकार हांकां 2014 वर्सा तानसेन सम्मान आनी 2016 वर्सा संगीत नाटक अकादेमी पुरस्कार फावो जाल्लें. गोंय सरकाराचो गोमंतविभूशणपुरस्काराचेतेमानकरीआसात.

गोमंत विभुषण पं. प्रभाकर कारेकर हांका गोंयच्या वतीन आदरांजली ओपपाक फाल्या. 14 फेब्रुवारी 2025 दिसा सकाळी 10.00 वराचेर कला आनी संस्कृती संचालनालयान पाटो पणजी हांगाच्या संस्कृती भवन संकुलांत शोकसभेचें आयोजन केला. संगीतप्रेमी आनी रसिकांनी शोकसभेत सहभागी जावचें, अशें आवाहन आयोजकांनी केला

महाकुंभ यात्रे 85

मडगाव: प्रयागराज हांगा चालू आशिल्ले महाकुंभ यात्रे खातीर आयज मडगांव रेल्वे स्थानकावयल्यान सुमार देड हजार भाविकांक घेवन एक खाशेली रेल्वे गाडी भायर सरली.

समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी ह्या भाविकांक निरोप दिलो. तांच्या वांगडा मुरगांवचे आमदार संकल्प आमोणकार हेय हाजीर आशिल्ले.ह्या आदीं फाटल्या सप्तकांत सुमार 1300 भाविक गोंयांतल्यान कुंभमेळ्याक गेल्ले. तेन्ना लेगीत फळदेसाय हांणीच तांकां निरोप दिल्लो. आयज ह्या भाविकाक निरोप दिवपा खातीर एक खाशेल्या ढोलतासो पंगडाक आपयल्ले. कुंभ मेळ्याक वतना भक्तांनी स्वत:ची आनी आपल्या वांगडा आशिल्ल्यांचीय जतनाय घेवची अशें आवाहन फळदेसाय हांणी केलें.

**जिणेकौशल्य शिक्षणाचेर परिशदेचें आयोजन डीआयपी 85**

भारतीय जिणें-कौशल्य शिक्षण संघटनेन पणजेच्या निर्मला शिक्षण संस्थेच्या जोड पालवान 27 फेब्रुवारी ते 1 मार्च 2025 मेरेन जिणें-कौशल्य शिक्षणाचेर 10व्या आंतरराष्ट्रीय परिशदेचें आयोजन केला.

“जिणेकौशल्य एकात्मिक शिकप आनी जीण- शाश्वत भविश्या खातीर मार्ग, शिक्षणात जिणेकौशल्याचो आसपाव करपा खातीर उपायांचेर भर आनी सर्वांगिण वयक्तिक आनी सामाजीक विकासाक मजत करपा खातीर आधुनिक जिणेशैली“ असो परिशदेचो विशय आसा. ह्या परिशदेच्या माचयेर विचारवंत, शिक्षक, संशोधक आनी हेर तंज्ञ एकठाय येवन विशयाचेर चर्चा करतले आनी गिज्ञानाचें दिवप घेवप करतले. राज्यांतल्या युवकांमदी सर्वांगिण शिक्षण आनी कुशळटाय विकासाक प्रोत्सा,हन दिवपाक परिशदेचें योगदान मेळटलें.

105

१७ ते २१ फेब्रुवारी मजगती मडगांव रविंद्र भवनात जावपी बुलबुल चित्रपट महोत्सवांत राज्यातल्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांतल्या विद्यार्थ्यांनी वांटेकार जावंचे अशें शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी मांगलां. बुलबुल ह्या भुरग्यांच्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाची दुसरी आवृत्ती राज्य सरकारच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान घडोवन हाडल्या. हो चित्रपट महोत्सव पुराय रितीन भुरग्यांखातीर आसा. बुलबुल चित्रपट महोत्सवांत विद्यार्थ्यांखातीर आनी पालकांखातीर वेगवेगळ्यो सर्ती आयोजीत केल्यात. हांतूत बॉलिवूड नाच सर्त, बुलबुल टॅलेंट हंट, ब्यूटी पेजेंट फॉर टीन्स, कथा सांगप, फॅन्सी-ड्रेस, रेखाटन सर्त आनी हेर जायते वेगवेगळे सर्तींचो आसपाव आसा. सगळ्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांच्या विद्यार्थ्यांक ह्या महोत्सवांत सोंपेपणान वांटेकार जावंक मेळचे म्हूण गुगल फॉर्मावरवी नोंदणी करची अशी सुचोवणी राज्य शिक्षण संचालनालयान केल्या.

अखिल गोंय सवेश नाट्यगीत गायन सर्त

साखळीच्या रवींद्र भवनात 18 फेब्रुवारी 2024 दिसा अखिल गोंय सवेश नाट्यगीत गायन सर्त आयोजित केल्या. रवींद्र भावनांच्या सभा घरात 16 तारखेर सकाळी नऊ ते चार या वेळेत प्राथमिक फेरी जातली. हे सर्तींत पंधरा वर्सावर कलाकारांक भाग घेवपाची संद मेळटली. प्राथमिक फेरीत जैतिवंत जाल्या स्पर्धकांक 18 फेब्रुवारी दिसा कोठंबी पाळी हांगसर श्री चंद्रेश्वर भूतनाथ संस्थानात जावपी निमणे फेरीत भाग घेवपाक मेळटलो. अंतिम फेरी दनपारां तीन वरांसावन सुरू जातली. इतले मजगती साखळी रवींद्र भवनाच्या परिषद कक्षाक पंडित रामदास कामत हांचे नाव दिवपाचो निर्णय रवींद्र भवनान घेतला. साखळी रवींद्र भवनाचे उपाध्यक्ष श्री दत्ताराम चिमुलकर हाणी माहिती दिताना सांगले की 18 फेब्रुवारी दिसा पंडित रामदास कामत हांचे जयंतीनिमतान साखळी रवींद्र भवनाच्या परिषद कक्षाक पंडित रामदास कामत हांचे नाव दिवपाचो निर्णय साखळेच्या रविंद्र भावनांन घेतला .ताचे उक्तावण मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं जातले.

120

ब्रिटिश पर्यटक डॅनियली मॅकलॉग्लीन खून प्रक़रणाचाे फाल्या निकाल

मडगाव: आठ वर्सां पयलीं काणकोण हांगा घडिल्ल्या आनी ते उपरांत पुराय संवसारात ताचे पडसाद उमटिल्ल्या ब्रिटीश पर्यटक डॅनियली मॅकलॉग्लीन हिच्या खून प्रकरणाचाे निकाल फाल्या शुक्रार १४ फेब्रुवारी दिसा मडगांवच्या दक्षिण गोंय जिल्हो न्यायालयात दितले.

दक्षिण गोंयच्यो अतिरिक्त सत्र न्यायाधीश क्षमा जोशी हांच्या न्यायालयात आयज हो निकाल जाहीर जावपाचो आशिल्लो. मात ही सुनावणी फाल्यांमेरेन फुडे धुकल्ली. आता फाल्यां दनपरां न्या. जाेशी आपलो निकाल दितले.

मार्च २०१७ ह्या म्हयन्यात राजबाग - काणकोण हांगा डॅनियली मॅकलॉग्लीन ह्या २८ वर्सांच्या ब्रिटीश युवतीचो खून जाल्लो. त्या आदी तिचेर लैंगिक अत्याचारय जाल्लो अशे काणकोण पुलिसांनी सादर केल्ल्या आरोपपत्रात म्हळां. ह्या प्रक़रणात विकट भगत ह्या दुबाविताक काणकोण पुलिसांनी अटक केल्ली. आयज ह्या प्रकरणाचाे निकाल आयकुपाक डॅनियली मॅकलॉग्लीन हिच्या घरातली मनशां तशेच ब्रिटीश दुतावासाचे अधिकारी मडगाव न्यायालयात हाजीर जाल्ले.

**15 आनी 16 फेब्रुवारीक युवा कोंकणी साहित्य संमेलन 250 डॅस्क**

गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी आनी रोजरी वाणिज्य आनी कला म्हाविद्यालय, नावेली हांच्या जोड पालवान 15 ते 16 फेब्रुवारी असे दोन दीस 24 वें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन आयोजीत केलां. ह्या सुवाळ्याक नामनेचे लेखक आनी पत्रकार विनायक होगाडे संमेलनाचे उद्घाटक म्हूण हाजीर आसतले. तशेंच संमेलनाध्यक्ष जोफा गोन्साल्वीस उपस्थीत आसतली, अशें गोवा कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष वसंत सावंत हांणी सांगलें. हे कार्यावळी विशीं म्हायती दिवपा खातीर कोंकणी अकादेमीन पणजे पत्रकार परिशद घेतिल्ली. ह्या वेळार अकादेमीचे अध्यक्ष वसंत सावंत, अधिकारी दत्तराज नायक, रोजरी म्हाविद्यालयाचे प्राध्यापक डॉ. डेनीस वाझ आनी रोमन रॉड्रीग्स हाजीर आशिल्ले.

सावंत हांणी सांगलें, पयल्या दिसा सकाळच्या 10 वरांचेर उक्तावण सुवाळो रोजरी पॅरीश हॉलांत जातलो. ह्या सुवाळ्याक युवा लेखक ब्रिजेश शेट देसाय हाच्या ‘पथरंग’ ह्या पथनाट्य पुस्तकाचें प्रकाशन जातलें. तशेंच जयेश अर्जून राऊत हांकां युवा साहित्यीक पुरस्कार भेटयतले आनी ताची मुलाखत घेतले. ते उपरांत साहित्यीक आनी शिक्षक अनंत अग्नी हांचें बीज भाशण जातलें. युवा लेखकांक तांचें साहित्य सादरीकरण करपाची संदूय ह्या संमेलनांत मेळटली. राजदीप नायक आनी विली गोयश, ‘पडवेर’ कार्यावळीक हाजीर रावून युवकां कडेन संवाद सादतले, अशी म्हायती सावंत हांणी दिली. दुसऱ्या दिसा, सकाळच्या 9 वरांचेर कथा, कविता, बालसाहित्य आनी पुस्तक समिक्षा ह्या चार साहित्य प्रकारांचेर कार्यशाळे वरवीं युवा लेखकांचें मार्गदर्शन मेळटलें.